पणजी national 1.12.2025 at 8.40 am

हयो आसात काय मुखेल खबरो

- **काल आकाशवाणीच्या मन की बात कार्यक्रमात आपले विचार मांडताना प्रधान मंत्र्यांनी गोंयच्या गिरेस्त नौदलाच्या दायजाचेर उजवाड घाल**
- **संसदेचें शिंयाळ्याचें अधिवेशन आयज सुरू जाता**
- **भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्री जगत प्रकाश नड्डा आयज संवसारीक एड्स दीस 2025 च्या राष्ट्रीय पांवड्यावेल्या समारंभाचे फुडारपण करतले**
- **फुटबॉलांत भारताच्या 17 वर्सां सकयल्या पंगडान इराणाचेर 2-1 अशी उल्लेखनीय जैत नोंद करून 2026 एएफसी अंडर-17 आशियाई कपां खातीर पात्रताय मेळयली**

MKB

काल आकाशवाणीच्या मन की बात कार्यक्रमात आपले विचार मांडताना प्रधान मंत्री नरेंद मोदी हांनी म्हणले की, कृषी क्षेत्रात एक व्हड पांवडो गाठत भारतान तीनशेपंचात्तर दशलक्ष टन अन्नधान्य उत्पादनाचो ईतिहासिक विक्रम प्रस्थापित केला.

प्रधान मंत्र्यांनी गोंयच्या गिरेस्त नौदलाच्या दायजाचेर उजवाड घालो आनी भारताच्या नौदलाच्या विमान येरादारीच्या उत्क्रांतीचे दर्शन घडोवपी एका अद्‌वितीय संग्रहालयाकडे लक्ष वेधले. गोयात घडोवन हाडील्या आयरनमन सर्तींत सहनशक्ती, उमेद आनी जागतीक सर्त एकठांय पळोवक मेळ्ळी.हया कठीण ट्रायथलॉनांत एकतीस देशांतल्या तेराशें वयर खेळगड्यांनी वांटो घेतिलो. प्रधान मंत्र्यांनी आयरनमन सर्तीचो उल्लेख करून संवसारीक पांवड्यावेल्या खेळां सर्तींचें केंद्र म्हूण गोंयची वाडत आशिल्या नामनेची तोखणाय केली. हे विशी सांगतात आमचे प्रतिनिधी

नोव्हेंबर महिन्यात संविधान दिसानिमित्त सेंट्रल हॉलात एक विशेष कार्यक्रम, वंदे मातरमचो देड्शावो वर्धापन दिस, अयोध्येत राम मंदिरात धर्मध्वज फडकावप आणि कुरुक्षेत्रात ज्योति/सारात पंच/जन्य स्मारकाचे उद्घाटन अशो खुप उर्बा मेळल्या अशे ताणी म्हळे.

मोदी हांनी परत एकदा लोकांक 'व्होकल फॉर लोकल' मंत्र मुखार व्हरपाचे आवाहन केले

-------------------------------

अधिवेशन

संसदेचें शिंयाळी अधिवेशन आयज सुरू जाता. ह्या अधिवेशनांत 19 दिसांच्या काळांत वट्ट 15 बसका जातल्यो. संसदेचे दोनूय सभाघराचे कामकाज सुरळीत चलचे हे खातीर काल सरकारान नवी दिल्लींत सर्वपक्षीय बसका आपयली. संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हांच्या अध्यक्षपदाखाला जाल्ले सर्वपक्षीय बसकेक छत्तीस राजकी पक्षांचे 50 फुडारी हाजीर आशिल्ले.

-------------------------------

शिवराज

केंद्रीय ग्रामीण उदरगत मंत्री शिवराज सिंग चौहान आयज नवी दिल्लींत सरस आ/जीविका अन्न महोत्सव 2025 चें उक्तावण करतले. ह्या महोत्सवांत देशभरांतल्या 25 राज्यांतल्या सुमार 300 लखपती दीदी आनी आप मजत गटांतली बायला वांटो घेतले अशी म्हायती ग्रामीण उदरगत मंत्रालयान दिल्या. वट्ट बासष्ट स्टॉलांतल्यान 50 स्टॉलांनी जेवण दितले, जाल्यार 12 स्टॉलांनी सैमीक खाणां-जेवणाचीं उत्पादनां सादर करतले.

-------------------------------

नड्डा

भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्री जगत प्रकाश नड्डा आयज संवसारीक एड्स दीस 2025 च्या राष्ट्रीय पांवड्यावेल्या समारंभाचे फुडारपण करतले. एच.आय.वी

आडावप, उपचार, काळजी आनी कलंक निर्मूलना खातीर राष्ट्रीय प्रतिसाद मुखार व्हरपा खातीर सरकाराची अखंड वचनबद्धतेची परत पुष्टी करपाचो हे कार्यावळीचो हेत आसा. ह्या कार्यक्रमांत सरकारी फुडारी, उदरगत भागीदार, तरणाटे प्रतिनिधी, समुदाय समर्थक, एच.आय.वी बाधित लोक आनी फ्रंटलायन भलायकी कर्मचाऱ्यांक एकठांय हाडटले, जे एड्स हो भौशीक भलायकेक धोको म्हूण ना करपाचे दिकेन भारताच्या प्रवासाक गती दिवपा खातीर एकवटीत दृष्टिकोन प्रतिबिंबीत करतले.

-------------------------------

गीता

आयज गीता जयंती मनयतात . 5,000 वर्सां आदीं कुरुक्षेत्राच्या झुज मैदानाचेर भगवान श्रीकृष्णान अर्जुनाक भगवद्गीतेचो कालातीत दिल्ल्या उपदेशचो हो दीस. गीता जयंती हो फकत धर्मीक म्हण  पाळपाचो दीस न्हय तर लाखांनी लोकांक तांच्या आध्यात्मिक आनी दिसपट्ट्या जिणेंत मार्गदर्शन करपी भगवान श्रीकृष्णान दिल्ल्या वैश्विक ज्ञानाची याद करून दिवपी दिस. काल मन की बात कार्यावळींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी भगवद गीते विशीं संवसारीक पावडयार  वाडत वचपी आवडीचेर भर दिलो. संवसारभरांतल्या लोकांक गीतेंतल्यान कशी प्रेरणा मेळटा तें पळोवन आपूण खूप प्रभावित जाला अशें मोदी हांणी सांगलें. हालींच हरियाणाच्या कुरुक्षेत्रांत जाल्ल्या आंतरराष्ट्रीय गीता महोत्सवांत युरोप, मध्य आशिया/सयत संवसारांतल्या जायत्या देशांतल्या लोकांनी वांटो घेतिल्लो अशें तांणी सांगलें.

-------------------------------

हॉर्नबिल

सव्विसावो हॉर्नबिल महोत्सव आजपासून नागालँडातल्या कोहिमा हांगा किसामा या दायज गावात सुरू जाता. नागालँडाच्या राज्य स्थापना दिसानिमित्त, धा दिसांचो हो महोत्सव परत एकदा सगळ्या मुखेल नागा जमातींक एकाच पारव्या खाला एकठांय हाडटले, जातुन लोककथा, संगीत, हस्तकला आणि पाककृतीं वरवी राज्यातले राहणीमान परंपरांचे प्रदर्शन करतले . पर्यटन उपक्रम म्हणून सुरू जाल्लो हो महोत्सव दोन दसका परस चड काळ जगातले सगळ्यात प्रतिष्ठित सांस्कृतिक महोत्सवां/पैकी एक जाला. हॉर्नबिल महोत्सव आज एक जागतिक माची म्हणून

उबो रावला जो भारत आणि परदेशातले पर्यटक, सहयोगी आणि कलाकारांक आकर्षित करता.

-------------------------------

फुटबॉल

फुटबॉलांत भारताच्या 17 वर्सां सकयल्या पंगडान इराणाचेर 2-1 अशी उल्लेखनीय जैत नोंद करून काल रातीं अहमदाबादांत जावपी 2026 AFC अंडर-17 आशियाई कपां खातीर  पात्रताय मेळयली. यजमानांक फुडें वचपाक जैताची गरज आशिल्ली, जाल्यार इराणाक फकत बरोबरीची गरज आशिल्ली.कैंद्रीय युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्री डॉ. मनसुख मांडविया यांनी भारतीय पंगडाचे इतिहासिक विजय आणि आशियाई कपां खातीर पात्रताय मेळईल्या खातीर  अभिनंदन केले.

-------------------------------

Imd

भारतिय  हवामान खात्यान आज सकाळीं मणिपूर आनी ओडिशा हांगा दाट धुकें पडपाचो अदमास काडला. फुडले तीन दीस हिमाचल प्रदेशांतय अशीच हवामानाची स्थिती उरपाची शक्यताय आसा. फुडल्या दोन दिसांत पंजाब, मध्य महाराष्ट्र आनी मराठवाड्यांत थंड ल्हार येतली असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

-------------------------------

**आता खबर□ स□प□वचे पायली परत एक फावट काय मुखेल खबर□**

- काल आकाशवाणीच्या मन की बात कार्यक्रमात आपले विचार मांडताना प्रधान मंत्र्यांनी गोंयच्या गिरेस्त नौदलाच्या दायजाचेर उजवाड घालो
- संसदेचें शियाळ्याचें अधिवेशन आयज सुरू जाता
- भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्री जगत प्रकाश नड्डा आयज संवसारीक एड्स दीस 2025 च्या राष्ट्रीय पांवड्यावेल्या समारंभाचे फुडारपण करतले
- फुटबॉलांत भारताच्या 17 वर्सां सकयल्या पंगडान इराणाचेर 2-1 अशी उल्लेखनीय जैत नोंद करून 2026 एएफसी अंडर-17 आशियाई कपां खातीर पात्रताय मेळयली